देवश्री पणजी राष्ट्रीय खबरो 07.05.2026 @ 8.40 am

नामस्कार आकाशवाणी पणजी प्रादेशिक

मुखेल खबरो

- राष्ट्रपती द्रौपदी मुर्मू हांणी काल सांजवेळार राष्ट्रपती भवनांत व्हिएतनामचे राष्ट्रध्यक्ष 'तो लाम' हांकां येवकार दिलो.
- बिहाराचे मुख्यमंत्री सम्राट चौधरी आयज आपल्या मंत्रिमंडळाचो विस्तार करतले
- परराष्ट्र मंत्री डॉ. एस. जयशंकर यांनी परामारिबो हांगा त्यांचे सुरीनामचे सम पदस्थ मेल्विन बोवा कडे चर्चा केली
- आयपीएल क्रिकेटात आज, लखनौ सुपर जायंट्साचो खेळ लखनौत रॉयल चॅलेंजर्स बंगळूर कडे जातलो खेळ सांजे ७.३० क सुरू जातलो

मुर्मू

राष्ट्रपती द्रौपदी मुर्मू हांणी काल सांजवेळार राष्ट्रपती भवनांत व्हिएतनामचे राष्ट्रध्यक्ष 'तो लाम' हांकां येवकार दिलो. तशेंच भेटीदार मानेस्तांच्या सन्मानार्थ मेजवानीची योजना केली . भारत-व्हिएतनाम संबंद 'वर्धित व्यापक धोरणात्मक

भागीदारीच्या पांवड्यार व्हेल्यार, द्विपक्षीय सहकार्याक चालना मेळटलीच पूण ह्या वाठारांत शांतताय आनी समृध्दीकूयय योगदान मेळटलें अशें तानी सांगलें.

व्हिएतनाम

भारत आणि व्हिएतनामान डिजिटल तंत्रज्ञान, दुर्मिळ खनिज, वैजकीय उत्पादन नियमन, भौशिक क्षेत्रातले लेखापरीक्षण, डिजिटल पेमेंट प्रणाली आणि संस्कृती आनी पर्यटन या

क्षेत्रांमदी खुपशा समजीकायेच्य कबलातीचेर सय केली. नवी दिल्लीत प्रधान मंत्री नरेंद्र मोदी आणि व्हिएतनामचे राष्ट्राध्यक्ष तो लाम ह्यांचे  मदी जाल्या चर्चे  उपरांत ही सय जाली. या चर्चेवेळार, दोन्ही फुडाऱ्यानी द्विपक्षीय संबंधांच्या वेगवेगळ्या तासांचेर तसेच परस्पर हिताच्या प्रादेशिक आणि जागतिक मुद्द्यांर विस्तृत चर्चा केली.

प्रधान मंत्री नरेंद्र मोदीनी म्हणाले की, व्हिएतनामचे राष्ट्राध्यक्ष म्हणून वेचुन आयले उपरांत एका महिन्याभितर राष्ट्राध्यक्ष तो लाम हांचो पयलो भारत दौरा,हातुंतल्यान ते भारत-व्हिएतनाम संबंधांक कितले प्राधान्य दितात हे दर्शयता

सम्राट चौधरी

बिहाराचे मुख्यमंत्री सम्राट चौधरी आयज आपल्या  मंत्रिमंडळाचो  विस्तार  करतले. दनपारां 12  जावंन  धा  mintacher पाटणाच्या गांधी मैदानाचेर जावपी सोपूत सुवाळ्याक प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी, केंद्रीय गृहमंत्री अमित शाह आनी एनडीएचे जायते वरिश्ठ फुडारी हाजीर आसतले. फाटल्या सरकारांन  केल्या सुत्राच्या आदाराचेर   हो  मंत्रीमंडळ विस्तार जाता. सुमार पंदरा भाजप आनी जेडी(यू)चे  चौदा  आमदार  मंत्रीपदाची   सोपूत घेवपाची शक्यताय आसा. ते भायर लोक/जन/शक्ती पार्टी (रामविलास) चे दोन मंत्री आनी हिंदुस्तानी आवाम मोर्चा आनी राष्ट्रीय लोक मोर्चाचे दरेकीं एक मंत्री मंत्रीमंडळांत समावेश  करपाची  अपेक्षा  आसा.

रथ

अस्तंत बंगालांतल्या उत्तर 24 परगना जिल्ह्यांतल्या मध्य/ग्रामांत एका धक्कादायक घडणुकेंत भाजपा फुडारी सुवेन्दु अधिकारी हाचो लागींचो सहकारी चंद्र/नाथ रथ हाका अज्ञात हल्लेखोरांनी गुळयो घालून जिवेशीं मारलो. मेळिल्ले म्हायती प्रमाण काल रातीं दोह/रियांत दुचाकीवेल्यान अयिल्ल्या गुंडांनी तांचेर ताच्या अंदाधुंद गोळीबार

केलो. चंद्रनाथ हांका थळाव्या हॉस्पिटलांत व्हेलो, पूण थंय पावतकच दोतोरांनी ताका मरण आयिल्ल्याचें जाहीर केलें. ताचो ड्रायव्हर बुध्द/देब बेरा हाकाय जायत्यो गुळयो लागुन जखमी जाल्ल्यान ताका गंभीर अवस्थेंत कोलकाता हॉस्पिटलांत व्हेला. हॉस्पिटल प्रशासनाच्या म्हणण्या प्रमाण चंद्रनाथ हांच्या काळजाक दोन फावटीं गोळी लागली आनी एक गुळी ताच्या पोटातल्यान गेली; बुध्ददेबा हाच्या छाती, पोट आनी हाताक जखम जाल्या. सूत्रांनी दिल्ले म्हायती प्रमाण चार दुचाकीवेल्यान अयिल्ल्या आठ हल्लेखोरांनी गाडयेचो फाटलाग केलो आनी अचकीत ताचेर हल्लो केलो

जयशंकर

परराष्ट्र मंत्री डॉ. एस. जयशंकर यांनी परामारिबो हांगा त्यांचे सुरीनामचे सम पदस्थ मेल्विन बोवा कडे चर्चा केली. ९व्या संयुक्त आयोग बसकेच्या निमित्तान भारतीय आणि सुरीनामच्या शिष्टमंडळांनी भारत-सुरीनाम संबंधांचो सर्वसमावेशक आढावो घेतलो हातुंत वेपार , गुंतवणूक, संरक्षण आणि ऊर्जा, विकास मजत आणि क्षमता बांधणी, भलायकी आणि गतिशीलता, संस्कृती आणि लोकांमधली देवाणघेवाण या विषयांचो आसपाव आशिल्लो.चर्चेच्या परिणामांन भारत-सुरीनाम संबंध अधिक घटट आणि वैविध्यपूर्ण जातले असो, विश्वास डॉ. जयशंकर यांनी व्यक्त केलो. संयुक्त आयोग बसके उपरांत पत्रकार परिषदेत दिल्या निवेदनात परराष्ट्र मंत्र्यानी म्हणले की, या चर्चेत जागतिक बहुपक्षीय मुद्देय मांडले. भारताचे सुरीनामा वांगडा सखोल आणि विश्वासपूर्ण संबंध आसात, कारण ते लोकांमधल्या मजबूत संबंधांचेर आधारलेले आसात. सुरीनाम आज आपल्या विकासाच्या प्रवासात व्हड पावला घालपाक सज्ज आसा हाचे डॉ. जयशंकर यांनी कौतुक केले.

एम्स

ऑल इंडिया इन्स्टिटट्यूट ऑफ मेडिकल सायन्सेस (एम्स) दिल्लीन ४० दृष्टिबाधित व्यक्तींक आर्टिफिशियल इंटेलिजन्सन सुसज्ज स्मार्ट व्हिजन ग्लासेसचे वाटप केले जाका लागुन ते आवाजाच्या माध्यमातल्यान आपल्या भोवतणचो परिसर समजू शकतले. प्रत्येक ग्लासाची किंमत सुमार ३५ हजार रुपया आसा अशे आर. पी. सेंटर ऑफ ophthalmic सायन्सेस हांगा आयोजित एका कार्यक्रमात उलय्ताना डॉ.प्रवीन वशिसठ हानि माहिती दिली . Byte

राजनाथ

संरक्षण मंत्री राजनाथ सिंग आनी संरक्षण मुखेल जनरल अनिल चौहान आयज जयपूरांत जावपी संयुक्त कमांडर परिशदेच्या दुसऱ्या अधिवेशनांत वांटो घेतले. ‘नव्या क्षेत्रांमधली लश्करी क्षमता’ ह्या विशयाचेर आदारिल्ली ही दोन दिसांची परिशद ‘ऑपरेशन सिंदूर’च्या पयल्या वर्स पूर्तीक जाता म्हणून तिका खाशेलें म्हत्व आसा. सायबर, अंतरिक्ष आनी झुजा सारकिल्या उदेत्या क्षेत्रांतल्या आव्हानांचें मुल्यांकन करपाक आनी निर्णायक आघाडी सयत लवचीक आनी फुडाराक तयार आशिल्ल्या सशस्त्र दळा खातीर क्षमता विकास येवजण आराखडो तयार करपाक ही परिशद म्हत्वाची माची दितली अशें संरक्षण मंत्रालयान सांगलें.

ही आसा एक कळोवणी

आकाशवाणी पणजी केंद्राच्या खबरा विभागा वरवी ‘खबरा वाचक तशेच

अणकारक पदाखातीर कराराचेर पात्र उमेदवारांकडल्यान अर्ज मागयल्यात. उमेदवार पदवीधर ,पिराय 21 ते 50 वर्सां मजगतीं कोंकणी भाशेचें गिन्यान , तशेंच इंग्लीश-कोंकणी आनी कोंकणी-इंग्लीश अणकार करपाचें कसब ,प्रसारणाखातीरयोग्य आवाज जाय. अर्ज करपाची निमणी तारीख 17 मे २०२६ आसा.

आयपीएल

आयपीएल क्रिकेटात, काल राती सनरायझर्स हैदराबादान पंजाब किंग्साचो तेत्तीस धावड्यानी पराभव केलो. सनरायझर्स हैदराबादान दिल्या दोनशे छत्तीस धावड्याची मोख गाठताना, पंजाब किंग्स निर्धारित २० षटकांत सात गडे वगडावन २०२ धावडयो करपाक शकलो. आज, लखनौ सुपर जायंट्साचो खेळ लखनौत रॉयल चॅलेंजर्स बंगळूर आड जातलो. खेळ सांजे ७.३० क सुरू जातलो

हवामान

भारतीय हवामान खात्यान आयज राष्ट्रीय राजधानींत ढगाळ आनी गडगडासयत झगलाव/nyaचो अदमास दिला . हवामान खात्याच्या म्हणण्या प्रमाण आयज चडांत चड तापमान 35 ते sattis अंश सेल्सियस मदीं आसपाची शक्यताय आसा, जाल्यार उण्यांत उणें तापमान 21 ते 23 अंश सेल्सियस सुमाराक आसपाची शक्यताय आसा.

आता खबरो सोपोवचे पयली परत एक फावट काय मुखेल खबरो

- राष्ट्रपती द्रौपदी मुर्मू हांणी काल सांजवेळार राष्ट्रपती भवनांत व्हिएतनामचे राष्ट्रध्यक्ष 'तो लाम' हांकां येवकार दिलो.
- बिहाराचे मुख्यमंत्री सम्राट चौधरी आयज आपल्या मंत्रिमंडळाचो विस्तार करतले
- परराष्ट्र मंत्री डॉ. एस. जयशंकर यांनी परामारिबो हांगा त्यांचे सुरीनामचे सम पदस्थ मेल्विन बोवा कडे चर्चा केली

- आयपीएल क्रिकेटात आज, लखनौ सुपर जायंट्साचो खेळ लखनौत रॉयल चॅलेंजर्स बंगळूर कडे जातलो खेळ सांजे ७.३० क सुरू जातलो